**<u>सशस्त्र दळांची सेवा युवकांखातीर प्रेरणा जावन आसा- राज्यपाल</u>**

ता. 7 डिसेंबर 2021

आमची सैन्य दळां देशाच्या सीमांचे रक्षण करतात म्हूण आमी सुरक्षीत आसात. तांचो पराक्रम, धाडस आनी देशप्रेम युवा पिळगेखातीर सदाच प्रेरणा जावन आसा, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनार सशस्त्र दळां ध्वज दीस कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्याची प्रथम महिला एड. रिता श्रीधरन पिल्लई, मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, सैनिक कल्याण खात्याचे सचीव मेजर वेणूगोपाल नायर आनी सशस्त्र दळांचे अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

राज्यपालान सशस्त्र दळांनी देशाचे संरक्षण आनी आपत्तीच्या वेळार केल्ल्या सेवेची तोखणाय करून सैनिकांच्या कुटुंबांच्या कल्याणाखातीर राज्यांतल्या लोकांनी सशस्त्र दळां ध्वज दीस निधीखातीर सदळ हातांनी मदत करपाचो उलो मारलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सशस्त्र दळांप्रती आदर दाखोवपा खातीर तशेंच राज्यांतल्या युवकांक सैन्य दळांनी भरती जावपाक उर्बा दिवपा खातीर राज्यांत सशस्त्र दळां ध्वज दीस मोठ्या प्रमाणात आयोजीत करपाची गरज उक्तायली.

सैन्य दळांतल्यान निवृत्त जावपी सैनिकांक आनी तांचेर निंबून आशिल्ल्या कुटुंबाक सरकारावतीन उपलब्ध सुविधांचो लाव दितात, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय मुक्ती खातीर सैन्य दळान केल्ल्या ऑपरेशन विजय मोहिमेचो उगडास करून मुख्यमंत्र्यान गोंय तांचे योगदान केन्नाच विसरचे ना अशें म्हणले आनी त्या म्हान सैनिकांक अभिवादन केले.

फाटल्या वर्सा सशस्त्र दळां ध्वज दिसा अदीक निधी एकठाय केल्ले खातीर राज्यपालाहस्तुकीं उच्च शिक्षण संचालनालय, बायला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय आनी अबकारी खात्याक पुरस्कार भेटयले.

श्रीमती समीक्षा भोबे काकोडकर हांणी गीत सादर करून हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1021

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji